# रस्ते खणपाक बंदी

ता. 26 डिसेंबर 2025

उत्तर गोंय जिल्हाधिकाऱ्यान उत्तर गोंय वाठारांत जुवारी पुल, जीएमसी बांबोळी, ताज सिदादे द गोवा, हॉरिजन ते दोनापावला मेनचो खंयचोय रस्तो वा रस्त्याचो भाग खणपाक बंदी लागू केल्या.

उदका पुरवण, सिव्हेज, लायटीचे कनेक्शन आनी हेर ताकतिकेच्या कामा खातीर रस्तो खणपा खातीरचो अर्ज वा विनवणी विशी संबंदीत खात्यान निर्णय घेवन शिफारस आनी समर्थन अहवाला सयत फुडल्या कार्यवाये खातीर जिल्हा न्यायदंडाधिकार्याक धाडपाक जाय.

ह्या आदेशाचे उल्लंघन करप्यांआड भारतीय न्याय संहिता कायद्या खाला कारवाय जातली. हो आदेश 27 डिसेंबर 2025 दिसा लागू जातलो आनी 28 डिसेंबर 2025 दिसा 10.00 वरा मेरेन लागू उरतलो.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/978

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.